Panaji regional news

11 .04.2025,,7.20pm

गोंय विद्यापिठाची शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाळा मराठी अध्ययन शाखा आनी  आनी महाराष्ट्राची राजारामबापु पाटील ललित कला अकादमीच्या जोडपालवान आयज लोकनेता राजारामबापु पाटील राष्ट्रीय ललित कला सन्मान पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याची कार्यावळ गोंय विद्यापिठात जाली.

 ह्यावेळार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हण  हाजीर आशिल्ले. तांच्या हस्तुकी मराठी साहित्यकार डोक्टर रमेश वरखडे हाका मराठी साहित्यातल्या योगदानाखातर नाशिकचे जीवनगैरव पुरस्कार, जाल्यार गोंयचे प्राचार्य अनिल सामंत हांका  मराठी साहित्य लेखन आनी मराठी भाशा प्रसाराखातीर विशेश पुरस्कार फावो जाला. हे शिवाय  मराठी साहित्यिक  प्रकाश जडे मंगळवेढा ,अभिराम भडकमकार, डोक्टर मिनाक्षी पाटील हांका पुरस्कार दील्यात.

ह्या कार्यावळीक  महाराश्टआतले नामनेचे सामाजिक  वावुरपी तशेंच  राजकीय फुडारी हाजीर आशिल्ले.

पेन्ह दी फ्रान्स, साल्वार दी मुंद ,भिरोंडा ह्या तीन गावांक  उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी  खासदार निधीतल्यान हर्स वेनी दील्या.ही कार्यावळ पणजे पर्यटन भवनात आयज जाली. ह्यावेळार पर्येची आमदार देविया राणे,तशेंच उत्तर गोंय जिल्होधिकारी स्नेहा गीते हाजीर आशिल्ली.

ह्यानफुडे पंचातीकडल्यान जर मागणी येत जाल्यार पंचायतीक कोयर व्हरपाक लागपी वॅन दिवपाक यत्न करतले अशे खासदार श्रीपाद नायक हांणी म्हणला. सुमार 30 लाख रुपया एक अश्यो तीन हस्र वेन्ही आयज खासदार निदीतल्यान दिल्या अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दिल्या.खासदार निधीतल्यान मेळिल्लया आवश्यक मजतीतल्यान गोंयच्या उदरगतीक मोट्या प्रमाणात हातभार लागता, हाका लागुन विकसित भारता वांगडा विकसीत गोंय करपाची मोख निश्चीतुच बेगोबेग साध्य जातली अशे मत आमदार देविया राणे हिणे ह्यावेळार उलयतना व्यक्त केला.

केंद्रान 2030 मेरेन 500 जीडब्ल्यू हरीत उर्जा मेळोवपाचें लक्ष्य थारायलां,राज्याची चालू आशिल्ली सौरउर्जेची प्रगती मतींत घेतल्यार गोंय 2029 मेरेन हरीत उर्जा साध्य करतलें असो विस्वास वीज खात्याचे मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी व्यक्त केलां.

गोंय वीज खात्यान गोंयच्या उर्जा कार्यक्षमताय ब्युरोच्या जोडपालवान आयज गोंयभरांतल्या आंगणवाडींक इंडक्शन कुकटॉप वांटल्यात. सुरवेक 650 जणांक हयो लाटीच्य शेगड्यो दिल्यात. फउडारात उरील्लया अंगणवाडीक त्य दितले अशी म्हायती मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी दिल्या.गोंयांक वर्सुकी 650 मॅगा वॅट वीज लागता, मात आता हे प्रमाण वाडला, सध्या 850 मॅगा वॅट चेर हे प्रमाण पावला, अंदु ह्या मागणेत आनीक 50 मॅगा वेटची मागणी वाढल्या अशी म्हायती मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी दिल्या.जाल्यार 650 शाळांनी फॅन, ट्युबलायट, एलईडीचो उपेग चालीक लायला. जाल्यार सध्या गोंयांत 438 शाळांनी एनर्जी क्लब केल्यात . हाका लागुन हरीत उर्जेचो उपेग चडानचड करपाच्या हेतातल्यान सरकार काम करता अशे सुदिन ढवळीकार हांणी सांगले.

गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांच्य फुडारपणाखाला आयज भाजपाचे शिश्टमंडळान मुखेल वेंचणुक आयुक्त रमेश वर्मा हांची भेट घेतली. ह्यावेलार दोमादर नायक हांणी बेकायदेशीरपणान नोंदणी जाल्या मतदारांक मतदान नोंदणी वळेरीतल्यान काडुन उडोवची अशी मागणी वेंचणुक आयुक्ताकडे केल्या. तशेंच गोंयांत राबीतो करी नाशिल्लया काय मनशांचीच नावा मतदार वळेरीत आसा, ती लेगीत रद्द करची अशी मागणी तांणी ह्यावेळार निवेदनातल्यान केल्या. जे मतदार हयात ना तांची लेगीत नावा मतदान वळेरीतल्यान काडची अशी मागणी तांणी ह्या निवेदनातल्यान केल्या.

मतदान प्रक्रिया पारदर्शक आनी सुटसुटीत तशेचं जनतेच्या विस्वासाक पात्र थारपी सरकार निवडुन दिवपाक मजत करपी महत्वाची प्रक्रिया , ताका लागुन मतदार वळेरीतल्यो संबंधित बाबी बेगोबेग सारख्यो करच्यो अशी मागणी दामोदर नायक हांणी केल्या. ह्या शिश्टमंडळात भाजपाचे फुडारी सिदार्थ कुकंळकार, केशव प्रभु, नवीन पै रायकार, पुंडलीक राऊत देसाय,तशेंच भाजपाचे हेर फुडाऱ्यांचो आसपाव आशिल्लो.

वास्को - लोकांनी घरातलें निर्माल्ल्याचें पावित्र्य राखून दवरपा खातीर मेळत थंय उडोवचे बदला व्यवस्थित रित्या ताचो विलो लावचो अशें वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें म्हळा.

भारतीय जनता पक्ष स्थापनेच्या फाट भुयेर नितळसाणीचो एक भाग म्हुण आमदार साळकार हाणें आयज मायमोळें वाठारांत तळ्या लागसार आशिल्लो वाठार पक्षाच्या वा बुरप्यांक घेवन नितळ केलो. ह्या वेळार वचत थंय निर्माल्ल्य उडयल्ल्याचें पळोवन आमदारान चिंता उक्तायली. ताणें म्हळा, की लोकांनी निर्माल्ल्य उक्ताडार उडोवन ताचें पावित्र्य व्हगडावचे बदला घरातल्या पोरसान

ना जाल्यार एकाच सुवातेर राखून दवरपाची व्यवस्था करची अशें वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें म्हळा. ह्या वेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, पालिका वांगडी शमी साळकार आनी पक्षाचे हेर वावुरपी हाजीर आसले.

गोंयांतल्या ल्हान,आनी मध्यम उद्देगांखातीर वेवसायातल्यो संदी ह्या विशयाचेर आयज गोंय उद्देग संचालनालय आनी confideration of indian industry (CII) च्या जोडपालवान खरेदीदार -विक्रेतो मेळावो 2025 आयज पणजे कार्यावळ आयोजीत केल्ली.

गोंयांतल्या थळाव्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांची उत्पादनांक multi national company तांची उत्पादना वीकपाक संद दीवप,तशेंच मागणेप्रमाण वस्तु तयार करपी उद्देग गोयांत चालीक लावप,गोंयच्या उद्देग मळाक घटमुट करपाच्या हेतान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती उद्देग खात्याचे सचीव सुनील अंचीपका हांणी ह्यावेळार दील्या.

ह्यावेळार सीआयआयचे उपाध्यक्ष महेंद्र वानी, सीमेंस लिमिटेडचे अधीकारी स्टीफन फ्रिट्झ तशेंच हेर मानेस्त मेळाव्याक हाजीर आशिल्ले.ह्या मेळाव्यात गोय भरातल्या सुक्ष्म,ल्हान आनी मध्यम उद्देजकांनी वाटो घेतील्लो.

जो लागिल्ल्या दाऊद चाळीतल्या लोकांक दुसरेकडे हालयले

मडगांव: मडगांवांतल्या पोरण्या इमारतींपैकी एक अ ाशिल्ल्या खारेबांद हांगाच्या दाऊद चाळींतल्या लोकांक आयज दक्षिण गोंय जिल्हा े प्रशासनान दुसरेकडेन हालोवपाचो निर्णय घेतलो. काल ह्या इमारतीच्या तिसऱ्या मजल्याच्या पाश्टाक उजो लागपाची घडणूक घडिल्ली.

आयज मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत आनी दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी अॅग्ना क्लिटस हांचेवांगडा ह्या इमारतीची पळाेवणी केली. सध्या ही इमारत लाेकांक रावपाखातीर धाेक्याची अासा. ते खातीर ह्या इमारतीत रावपी लाेकांक दुसरेकडेन हालोवपाचो निर्णय घेतला. तांतल्या कांय जाणांक फातोड्डेच्या जवाहरलाल नेहरु स्टेडियमाचेर दवरतले अशें कामत हांणी सांगलें.

सध्या हे इमारतींत शंबरां परस चड लोक रावताले. ही इमारत पोरणी जाल्ल्यान तिची स्थिरताय गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे तज्ञ तपासतले. उपरांत इमारत कशी दुरुस्त करची हाचेर निर्णय घेतले अशी म्हायती कामत हांणी दिली. आयज तांचेवांगडा मडगांवचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, थळाव्यो नगरसेविका दीपाली सावळ, नगरसेवक महेश आमोणकार, आदलो नगरसेवक मनोज मसूरकार आनी हेर थळावे लोक  हाजीर आशिल्ले.